# <u>उमेदवारांक सुचोवण्यो</u>

अर्जी फॉर्म भरचे पयलीं उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्यो सगल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचचें. सकयल दिल्ल्या सुचोवण्यां प्रमाणें अर्जी फॉर्म सक्तीन भरपाक जाय. अर्ज योग्य रितीन, पुरायपणान आनी सुचोवण्या प्रमाणें भरूंक ना जाल्यार अर्ज न्हयकारतले आनी न्हयकारपाची जापसालदारकी उमेदवारांचेर आसतली. न्हयकारल्या उपरांत आयोग कसल्याच दाव्यांची दखल घेवचे नात..

## 1. अर्जी फॉर्म

अ) अर्जदारान गोंय कर्मचारी निवड आयोगाच्या संकेतथळाक भेट दिवपाक जाय https://gssc.goa.gov.in आनी ताची/तिची नोंदणी करची. अर्जदारान फुडाराच्या वापरा खातीर संगणकाचेर तयार केल्लो वापरप्याचो आयडी आनी पासवर्ड नोंद करूंक जाय. एकदा नोंदणी पुराय जाल्या उपरांत अर्जदार ऑनलायन अर्जी फॉर्म भरूंक शकता.

ब) अर्ज भरचे पयलीं, अर्जदारान 1 MB परस उण्या आकाराच्या jpeg वा jpg स्वरूपांत स्वताचो पासपोर्ट आकाराचो फोटो आनी ताची/तिची सय स्कॅन करची.

क) उमेदवारान एका परस चड पदां खातीर अर्ज केलो जाल्यार दरेक पदा खातीर वेगळो अर्ज सादर करचो.

ड) आयोग ऑनलायन शिवाय हेर खंयच्याच माध्यमांत अर्जी फॉर्म स्विकारचे नात.

## 2. अर्जी फॉर्म भरप

ए) सगले कॉलम्स/जागे तातूंत दिल्ल्या पर्यायां प्रमाणें भरचे. खंयचोच जागो रिकामो वा चुकीचो भरचो न्हय, कारण तातूंत दिल्ली माहिती उमेदवारीची शिफारस करपा खातीर उमेदवारांची पात्रताय आनी योग्यताय थारावपा खातीर जातली.

बी) अर्जी फॉर्मांत शिक्षणीक पात्रताये अंतर्गत, उमेदवारांनी "गुणांची टक्केवारी" ह्या कॉलमांत संबंदीत परिक्षेंत प्राप्त केल्ली गुणांची टक्केवारी (%) स्पश्टपणान नमूद करची. सीजीपीए/जीपीए/एसजीपीए आनी हेर ग्रेड दिवपाच्या वेळार, गुणांची टक्केवारी एआयसीटीई/युजीसीन मान्यताय दिल्ल्या समतुल्यतेच्या तक्त्या प्रमाणें थारायतले. "ह्या सुचोवण्यांक पाळो दिवपाक अपेस थारल्यार उमेदवारी न्हयकारूंक शकता".

| **ग्रेड पॉयण्ट** | **टक्केवारी** |
|---|---|
| 6.25 | 55% |
| 6.75 | 60% |
| 7.25 | 65% |
| 7.75 | 70% |
| 8.25 | 75% |

सी) अर्ज करपाच्या तारखेक उमेदवारां कडेन शिक्षणीक पात्रताय, अणभव आनी हेर सगलीं प्रमाणपत्रां मूळ स्वरुपांत आशिल्ल्याची खात्री करची. तशेंच अर्ज मेळोवपाच्या निमाण्या तारखेक जातीचो दाखलो वैध आसा काय ना हाचीय खात्री करची.

ड) अर्जी फॉर्माचो प्रिंटआवट आयोगाक <u>धाडचो न्हय</u>.

ई) इंटरनेटाचेर चड ताण पडल्यान वा संकेतस्थळ ठप्प जाल्ल्यान डिस्कनेक्शन/संकेतथळाचेर लॉग ऑन करपाक अक्षम/अपेस अश्यो शक्यताय टाळपा खातीर उमेदवारांनी निमाण्या तारखे पयलीं ऑनलायन अर्ज वा शुल्क भरचें आनी निमाण्या तारखे मेरेन रावचें न्हय असो सल्लो उमेदवारांच्या हिता खातीर दितात.

एफ) वयर दिल्ल्या कारणांक लागून वा जीएसएससीच्या नियंत्रणा भायर हेर खंयच्याय कारणांक लागून उमेदवारांक निमाण्या तारखे पयलीं आपलो अर्ज सादर करूंक मेळूंक ना जाल्यार कसलीच जबाबदारी जीएसएससी घेवची ना.

जी)पदाच्या म्हत्त्वाच्या आवश्यकताये प्रमाणें ऑनलायन अर्जी फॉर्मांत उमेदवारांनी ताच्या पात्रताय आनी अणभव हाचे कडेन संबंदीत सगले तपशील भरल्यात हाची खात्री करची. एकदा अर्ज सादर केल्या उपरांत प्रत्यक्ष स्वरुपांत कसलीच माहिती स्विकारचे नात आनी उमेदवाराक

जर अतिरिक्त माहिती अपलोड करपाची आसा जाल्यार ताणें/तिणें त्या विशेश पदा खातीर अर्ज सादर करपाच्या निमाण्या तारखे पयलीं परत अर्ज करचो.

एच) उमेदवाराक सकयल दिल्ल्या प्रमाणें अडचणी आयल्यार :

i. वेब पोर्टलाचेर ऑनलायन अर्ज सादर करपाक

ii. अर्ज शुल्क फारीकणी करपाक

ते 8530499686 हाचेर संपर्क करूंक शकतात आनी/वा goacbes-support@gov.in हाचेर प्रस्न आसल्यार मेल करूंक शकतात.

**उमेदवारां कडल्यान आयोगाच्या कार्यालयीन दूरभास क्रमांकाचेर वा अधिकृत ईमेल आयडीचेर खंयचेच फोन कॉल्स वा ईमेल विचारार्थ घेवचे नात.**

**3. अर्ज शुल्कः**

उमेदवारांच्या वेगवेगळया श्रेणीं खातीर अर्ज शुल्क सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:

| श्रेणी | फी (रु.) | |
|---|---|---|
| | सीसीएस सुदारीत वेतन नेम 2016 चो स्तर 1 ते 3 | सीसीएस सुदारीत वेतन नेम 2016 चो स्तर 4 आनी ताचे वयर |
| अनारक्षीत (यूआर) | 200 | 400 |
| अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती | 50 | 100 |
| हेर मागास वर्गीय | 100 | 200 |
| दिव्यांग व्यक्ती | 50 | 100 |
| अर्थीक नदरेन दुर्बळे | 100 | 200 |

उमेदवारान वयर सांगिल्ले प्रमाण शुल्क भरचें पडटा, पूण ना जाल्यार उमेदवारी नाका म्हणटले.

अ) ऑनलायन अर्जी फॉर्म भरल्या उपरांत, उमेदवारान सुचोवणी केल्ल्या प्रमाणें ताचो/तिचो पासपोर्ट आकाराचो फोटो आनी सय अपलोड करची. अर्ज फी भरपा खातीर वेगवेगळे माध्यम आनी ताचें शुल्क सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:-

| माध्यम | पेमेण्ट |
|---|---|
| इंटरनॅट बँकींग | कांयच ना |
| डेबीट कार्ड | कांयच ना |
| क्रेडीट कार्ड | पेमेण्ट गेटवेचेर निर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें शुल्क |
| युपीआय | कांयच ना |

अर्ज शुल्क भरल्या उपरांत, फॉर्म सादर करपाची प्रक्रिया पुराय जातली. ते उपरांत अर्जी फॉर्मांत कसलोच बदल/सुदारणा करपाक परवानगी दिवचें नात.

बी)निर्धारीत अर्ज फी शिवाय अर्ज, वयर सांगिल्ल्या पद्दती प्रमाणें रोखडेच न्हयकारतले आनी न्हयकारपाच्या विरोधांत कसलोच पत्रवेव्हार/निवेदन विचारार्थ स्विकारचे नात.

सी) अर्जदारान फारीक केल्ली अर्ज फी अप्रतिदेय आसतली.

**4. ऑन-लायन अर्जी फॉर्मा सयत अपलोड करपाचे दस्तावेज.**

(ए) फकत jpeg वा jpg स्वरुपांत 1 MB परस उणो आकार आशिल्लो पासपोर्ट आकाराचो फोटो (स्कॅन केल्लो)

(बी) फकत jpeg वा jpg स्वरुपांत 1 MB परस उणो आकार आशिल्ली सय (स्कॅन केल्ली)

**5. पिराय सदळताय**

| अनु क्र | श्रेणी | पिराय सदळताय |
|---|---|---|
| ए. | अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती | 05 वर्सां |
| बी. | हेर मागीस वर्गीय | 03 वर्सां |
| सी. | दिव्यांग व्यक्ती | 10 वर्सां |
| डी. | दिव्यांग व्यक्ती+ अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती | 15 वर्सां, चडांत चड 56 वर्सां पिराये मेरेन |
| ई. | दिव्यांग व्यक्ती+ हेर मागीस वर्गीय | 13 वर्सां, चडांत चड 56 वर्सां पिराये मेरेन |

| | | |
|---|---|---|
| एफ. | सरकारी कर्मचारी | सरकारान वेळवार जारी केल्ल्या सुचोवण्या प्रमाणें 5 वर्सां मेरेन. |
| जी. | सरकारी कर्मचारी+ अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती | सरकारान वेळवार जारी केल्ल्या सुचोवण्या प्रमाणें 10 वर्सां मेरेन. |
| एच. | वेगवेगळया सरकारी खात्यांत काम करपी कंत्राटी कर्मचारी. | सरकारी खात्यांत केल्ली वट्ट कंत्राटी सेवा, जी चडांत चड 5 वर्सां आसूं शकता. |

- दिव्यांग व्यक्तीं बाबतींत, पद राखीव आसूं वा नासूं, पिराय मर्यादेंतली सदळताय लागू जातली, पूण त्या पदाक दिव्यांग व्यक्तीं खातीर योग्य म्हूण मान्यताय मेळिल्ली आसूंक जाय
- खात्याचो कर्मचारी आशिल्ल्यान एकाद्री व्यक्ती पिराय सदळताये खातीर पात्र आसल्यार, ताच्या खातीर / तिच्या खातीर फायद्याचे आसा ते प्रमाणें 'दिव्यांगत्व आशिल्ली व्यक्ती' वा 'खात्याचो कर्मचारी' म्हूण मान्य करतले.

## 6. 'सेवेंत आशिल्ल्या' उमेदवारां कडल्यान अर्ज.

ए)थेट भरतीच्या बाबतींत सरकारी कर्मचारी जेन्ना थेट जीएसएससी कडेन अर्ज करतात, तेन्ना तांणी तांच्या कार्यालयाच्या/खात्याच्या प्रमुखांक अर्ज केल्ल्या परीक्षेचे/पदाचे तपशील दिवन रोखडेंच कळोवचें, आनी तांची परवानगी थेट आयोगाक कळोवपाची विनंती करची. पूण, जर, कार्यालयाच्या / खात्याच्या प्रमुखांक मागिल्ली परवानगी आडावन दवरपाचे आवश्यक दिसल्यार, ताणें अर्ज स्विकारपाच्या निमाण्या तारखे पयलीं तीस दिसांच्या भितर ते विशीं आयोगाक कळोवचें. खातें प्रमुखांनी अर्ज आडोवन हे परिस्थिती प्रमाणें योग्य आसल्यार ताची माहिती अर्ज स्विकारपाच्या निमाण्या तारखे पयलीं तीस दिसांच्या भितर आयोगाला रोखडीच दिवची. सरकारी कर्मचाऱ्याच्या प्रत्यक्ष निवडीच्या वेळार, आरोपपत्र/खटलो मंजूर दाखल जाल्यार वा फौजदारी खटल्या खातीर आरोपपत्र दाखल केल्यार, वा सरकारी कर्मचाऱ्याक निलंबीत केल्यार, ताका नियुक्ती स्किकारपा खातीर सेवेंतल्यान मुक्त करचे नात, हे लेगीत स्पश्ट करचें.

बी)प्रशासकीय प्राधिकारिणीन एकदां अर्ज फुडें धाडल्या उपरांत, संबंदीत सरकारी कर्मचाऱ्याक नवीन नियुक्ती स्विकारपा खातीर सेवा मुक्त करप अनिवार्य आसा. पूण, अर्ज फुडें धाडल्या उपरांत, निवड करचे पयलीं अपवादात्मक परिस्थिती निर्माण जाल्यार जातूंत अधिकाऱ्याची सेवा मुक्त करप शक्य नासल्यार, ही वस्तुस्थिती आयोगाक तशेंच संबंदीत अधिकाऱ्याक

कळोवची. वयर नमूद केल्ली परिस्थिती खऱ्यानीच अपवादात्मक आसा जाल्यार अधिकाऱ्याची सुटका करची न्हय असो निर्णय घेवचो.

## 7. आरक्षणाचे फायदे

(अ) गोंय सरकारान वेळवार जारी केल्ल्यो विद्यमान सुचोवण्यो/आदेश/परिपत्रक हाच्या प्रमाणें अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती/हेर मागास वर्गीय/अर्थीक नदरेन दुबळे/दिव्यांग व्यक्ती/माजी सैनीक आनी हेर विशेश श्रेणीच्या उमेदवारांक आरक्षणाचो फायदो उपलब्ध जातलो. पदा खातीर ऑनलायन अर्ज करतना उमेदवारान विशिश्ट श्रेणीची निवड करची पडटली. फुडें खंयच्याच पांवड्यार श्रेणी बदलपाची विनंती विचारार्थ स्विकारचे नात.

(बी) वेगवेगळया पदां खातीर नियुक्ती प्राधिकारिणी वरवीं दिल्ल्या रिक्त पदांच्या अनुसरून आयोग उमेदवारांची निवड करता. खंयच्याय नियुक्ती प्राधिकारिणीच्या रिक्त पदांचो आंकडो थारावपा खातीर आयोगाची कसलीच भुमिका आसची ना. आरक्षण धोरणाची अंमलबजावणी करप, आरक्षण नामावली सांबाळप आनी वेगवेगळया श्रेणीं मदीं रिक्त पदां चिन्नांकीत करप हें नियुक्त प्राधिकारिणीच्या कार्यक्षेत्रांत येता.

(सी) जंय लागू आसा थंय खंयच्याय फायद्याच्या विस्तारा खातीर उमेदवारांची पात्रताय निश्चीत करपाक अर्जाची निमाणी तारीख ही अंतीम तारीख आसतली.

(डी) गोंय सरकारान अधिसुचीत केल्ल्या समाजांक हेर मागास वर्गीय श्रेणी अंतर्गत आरक्षण/पिराय सदळतायेचो फायदो दितले.

इ)अनाराक्षीत श्रेणींतल्या उमेदवारांक लागू आशिल्ल्या मानकांचेर तात्पुरती शिफारस केल्ल्या अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती/हेर मागास वर्गीय हातूंतलो उमेदवार जो संयुक्त गुणवत्ता वळेरींत येता ताका स्व-गुणवत्ता उमेदवार म्हण पळयता. अश्या उमेदवाराक आरक्षण नामावलीचेर अनारक्षीत गजालींत समायोजीत करतात. अनारक्षीत श्रेणींतले उमेदवारांक लागू आशिल्ल्या मानकांचेर निवड केल्ल्या अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती/हेर मागास वर्गीय हातूंतले फकत अशे उमेदवार आरक्षीत रिक्त पदां समायोजीत करचे ना. म्हणल्यारच, सदळताय मानक लागू करून अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती/हेर मागास वर्गीय उमेदवार निवड करतना, देखीक, पिराय मर्यादा, अणभव, पात्रताय आनी हेर, अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती/हेर मागास वर्गीय उमेदवारांची गणना आरक्षीत रिक्त पदां मदी करतले. अशे उमेदवार अनारक्षीत रिक्त पदां मदी घेवपा खातीर उपलब्ध ना अशे मानतले.

## 8. पात्रताय निकश

(ए) उमेदवार फाटल्या 15 वर्सां सावन गोंय राज्याचो निवासी आसूंक जाय आनी ताच्या कडेन सक्षम प्राधिकारिणीन जारी केल्लो दाखलो आसपाक जाय.

(बी) ज्या पदा खातीर ताका/तिका अर्ज करपाची इत्सा आसा त्या पदाच्या नोकर भरती नेमा प्रमाणें पिराय, शिक्षणीक पात्रताय, अणभव आनी हेर बाबतींत उमेदवार पात्र आसचो.

(सी)जायरातींत थारायिल्ल्या प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय, पिराय, अणभव आनी हेर अर्जाच्या निमाण्या तारखे प्रमाणें निश्चीत करतले.

## 9.निवड प्रक्रिया

(ए) आयोग दरेक पदा खातीर परिक्षेंत दरेक उमेदवारान प्राप्त केल्ल्या गुणांच्या आदारीत गुणवत्तेचेर उमेदवारांची लघूवळेरी तयार करतले.

(बी) लघूवळेरी तयार केल्ल्या उमेदवारांच्या प्राथमीक वळेरेंत जायरात केल्ल्या रिक्त पदांचो आंकडो आनी दर एका श्रेणींतल्या अशा पदां खातीर प्रतिक्षा वळेरेंत 25% वा दोन उमेदवार, जे चड आसात तांचो आसपाव आसतलो.

(सी) आयोग पयलीं बेंचमार्क दिव्यांग व्यक्ती श्रेणी आनी माजी सैनीक श्रेणींतल्या उमेदवारांची गुणवत्तेच्या आदाराचेर लघूवळेरी तयार करपाक फुडें सरतलो. अशे तरेन लघूवळेरी तयार केल्ल्या उमेदवारांक ते ज्या श्रेणींत आसात ते म्हणल्यार अनारक्षीत (यूआर), अनुसुचीत जमाती (एसटी), अनुसुचीत जाती (एससी) आनी हेर मागास वर्गीयांक (ओबीसी) हातूंत समयोजीत करतले. ह्या श्रेणींतलीं रिक्त पदां ते प्रमाणांत उणीं जातलीं. ह्या श्रेणी खाला उमेदवार उपलब्ध ना जाल्यार अशी जायरात केल्ल्या रिक्त पदांचो आंकडो अनारक्षीत श्रेणींतल्यान काडटले. देखीक, जायरात केल्लीं 10 पदां म्हणल्यार 05 यूआर, 02 एसटी, 01 एससी आनी 02 ओबीसी. तातूंतलें 01 पद बेंचमार्क दिव्यांग व्यक्तीं श्रेणी आनी माजी सैनीक श्रेणी खाला 01 पद भरपाक जाय आनी जर बेंचमार्क दिव्यांग व्यक्ती श्रेणी खाला उमेदवार उपलब्ध ना जाल्यार तो

अनारक्षीत श्रेणींतल्यान काडटले म्हणल्यार 5-1=4 म्हणल्यार आयोग अनारक्षीत श्रेणींतल्या फकत 04 उमेदवारांची निवड करपाक फुडें सरतले.

(डी) आयोग परिक्षेंत मेळिल्ल्या गुणांच्या देंवत्या क्रमा प्रमाणें अनारक्षीत श्रेणींतल्या उमेदवारांची निवड करपाक फुडें सरतलो.

(ई) उमेदवारान पिराय सदळताय लाव घेतला काय ना वा फी फारीक करपा शिवाय हेर खंयचीय सवलत/सदळताय घेवंक नाशिल्ल्या अटींक अधीन रावन, राखीव श्रेणींतल्या उमेदवारांच्या बाबतींत, जे परिक्षेंत तांच्या गुणवत्ते प्रमाणें अनारक्षीत श्रेणींत निवडी खातीर पात्र आसात, तांचे अनारक्षीत श्रेणींत समयोजीत करतले.

(एफ) आयोगान अनारक्षीत श्रेणींच्या उमेदवारांची वळेरी निश्चीत केल्या उपरांत, राखीव श्रेणी खाला उमेदवारांची निवड वळेरी तयार करपाक फुडें सरतले.

(जी) आयोग निवड वळेरी वांगडाच, उमेदवारांच्या संबंदीत श्रेणींतल्या तांच्या गुणवत्तेच्या आदारान, रिक्त पदांचो 25% मेरेन वा दोन उमेदवारां मेरेन, जे चड आसतलें, तांची वेगळी प्रतिक्षा वळेरी तयार करतले: पूण, निवड वळेरींतलो उमेदवार नियुक्तिचो प्रस्ताव स्विकारना वा अशा पदाचेर नियुक्ती खातीर तो अपात्र थारलो जाल्यार, खात्या कडल्यान प्राप्त जाल्ल्या अशा खंयच्याय विनंतीच्या आदारान, प्रतिक्षा वळेरींतल्या उमेदवाराचो विचार जातलो.

(एच) अशा पदां खातीर फुडल्या परिक्षेची तारीख जाहीर जाल्ल्या उपरांत वा अशे तरेची प्रतीक्षा वळेरी प्रकाशीत जाल्ल्या तारखे सावन एक वर्साच्या कालावधी उपरांत हातूंतले जे पयली आसा ते, फाटल्या नोकरभरतीच्या पदांची प्रतिक्षा वळेरी रद्द जातली.

<u>10. उमेदवारांची स्थाननियुक्ती</u>

(a) (ए) वेगवेगळ्या खात्यांत उमेदवारांची स्थाननियुक्ती आयोगाच्या निर्णयाचेर जातली. दरेक खात्यांतल्या पद/पदांची संख्या, दरेक श्रेणींतल्या भरती प्रक्रियेचो भाग तयार करपी खात्याची संख्या आनी वेंचून काडिल्ल्या उमेदवारांक गुणवत्तेच्या देंवत्या क्रमांत क्रमवार वेवस्था केल्ल्यान आयोग प्रमाणीक प्रतिनिधित्वाच्या संकल्पनेचे अनुसरण करूंक शकता.

(बी) आयोगाचो निर्णय निमाणो आसतलो. उमेदवारा कडल्यान तशेंच नियुक्ती प्राधिकारिणी कडल्यान खात्याक दिल्ले वाटपांत बदल करपाची कसलीच विनंती आयोग मानून घेवचें नात.

**<u>11. अतिरिक्त दस्तावेज/तपशील मागोवप</u>**

अर्ज प्राप्त जाल्ल्या उपरांत आयोग आपल्या स्वेच्छेन, उमेदवारा कडल्यान आनी दिल्ल्या वेळा भितर आनी आयोगाच्या समाधाना खातीर अशे तरेचो तपशील जो मेरेन दिना तो मेरेन फुडलो तपशील मागूंक शकता.

**<u>12. आग्रो धरप आनी समर्थन मागप</u>**

उमेदवारान खंयच्याय स्वरुपांत आग्रो धरल्यार आनी समर्थन मागल्यार वा आयोगाचेर खंयचेय पद्दतीन प्रभाव घाल्यार, ह्याका लागून उमेदवाराक अपात्र थारायतले आनी हे विशीं आयोगाचो निर्णय निमाणो आसतलो.

**<u>13. गैरवर्तणुके विरूद्ध शिटकावणीः</u>**

चुकीचो तपशील वा माहिती दिवची न्हय. खंयचीय भौतीक माहिती लिपोवची न्हय. सादर केल्ले खंयचेय दस्तावेज वा प्रमाणीत प्रती तयार, बनावट, बदल वा छेडछाड करप ना. उमेदवाराक जर वेगवेगळया नांवांनी / आडनांवांनी वळखतात जाल्यार, ताणें/तिणें सक्षम प्राधिकारिणी कडल्यान लग्न दाखलो वा विचलन प्रमाणपत्रां सारखे योग्य पुरावे सादर करचें. खंयच्यान मार्गान  आपल्या उमेदवारी खातीर तेंको मेळोवपाक, वा पररूपधारण करपाक, वा बनावट दस्तावेज वा कागदपत्रां अधिप्राप्त करपा खातीर वा सादर करपा खातीर, वा परिक्षे वेळार चुकीचीं वा अयोग्य साधनांचो वापर करपी विधानां करप, वा उत्तर पत्रिकेंत बिभत्स भास वा अश्लील गजालीं सयत अप्रासंगीक गजाली बरोवप वा परिक्षा हॉलांत खंयच्याय तरेन गैरवागणूक केल्ल्यान वा चांचणी घेवपा खातीर आयोगान /वा ताची एजन्सी कडल्यान नियुक्त केल्ल्या कर्मचाऱ्यांक त्रास दिवप वा शारिरीक हानी करप, वा  वयर निर्दिश्ट केल्ल्या सगळया वा कसल्योय कृतीं करपाचो यत्न करप वा प्रोत्साहन दिवप ह्या विशीं दोशी थारायल्यार वा आयोगाक दोशी मेळ्ळयार उमेदवार  गुन्यांवकारी खटल्याक तोंड दिवपाक तो/ती पात्र थारपा वांगडाच, जापसालदार आसूं येता:

ए) ज्या पदा खातीर तो / ती अर्जदार आसा त्या पदा खातीर निवड करपा खातीर आयोगा कडल्यान अपात्र थारावप; वा

बी) आयोगान घेतिल्ल्या खंयच्याय परिक्षा वा निवडी पासून कायमस्वरुपी वा विशिश्ट कालावधी खातीर प्रतिबंधीत करप; वा

सी) योग्य नेमा खाला शिस्तबद्ध कारवाय करपाची शिफारस करपा खातीर, जर तो / ती पयलींच सरकारी सेवेंत आसा जाल्यार.

## 14. परिक्षा/कौशल्य चांचणी/शारिरीक सहनशक्ती चांचणी खातीर आपोवप म्हणल्यार निवड न्हय

पदा खातीर निर्धारीत केल्ली गरजेची आवश्यक पात्रताय ताचे/तिचे कडेन आसा काय ना हाची तांणे/तिणें पडताळणी करप, ही जापसालदारकी पदा खातीर अर्ज करपी उमेदवाराची आसा. फकत परिक्षेक बसपा खातीर कळोवणी मेळ्ळयार उमेदवार ह्या पदा खातीर पात्र आसा अशें म्हणूंक जायना. खंयच्याय पांवड्यार, उमेदवारा कडेन आवश्यक पात्रताय नाशिल्ल्याचें दिसून आयल्यार ताची उमेदवारी रद्द जाल्ल्या अशें मानतले.

## 15. आयोगाचो निर्णय निमाणो आसतलो

आयोगान शिफारसी संबंदी घेतिल्लो निर्णय निमाणो आसतलो आनी ह्या संदर्भांत उमेदवारा कडल्यान खंयचोच पत्रवेव्हार/निवेदन मानून घेवचे नात. परिक्षा / नियुक्ती आनी हेरां खातीर उमेदवाराची निवड जावंक नाशिल्ल्या कारणां खातीर आयोग तांचे कडेन चवकशी / पत्रवेव्हार करचे नात.

## 16. नियुक्ती प्राधिकारिणी

आयोगान जायरात केल्ल्या पदां खातीर नियुक्ती प्राधिकारिणी हो आयोग आसना तर संबंदीत खातें मुखेली आसता. आयोग फकत तांणे निवड केल्ले उमेदवार/उमेदवारांच्या नांव/नांवांची शिफारस खात्या कडेन करता. ताका लागून दिल्ल्या वा दिवपाचे नियुक्ती संदर्भांत वा नियुक्तिच्या अटी संदर्भांत आयोग खंयच्याच उमेदवारा कडल्यान आयिल्ल्या खंयच्याय चवकशी / पत्रवेव्हाराची दखल घेवचे नात.

## 17. वैजकी तंदुरुस्ती

शिफारस केल्ल्या उमेदवारांची नियुक्ती करचें पयलीं, सरकारान निर्धारीत केल्ली वैजकी चांचणी करची पडटा. तो / ती ह्या पदा खातीर वैजकी नदरेन अपात्र थारल्यार, आयोगान शिफारस केल्ली आसली तरी तो/ती नियुक्ती प्राधिकारिणी कडल्यान नियुक्ती खातीर पात्र थारचो ना.

## 18. प्रमाणपत्रांची पूर्ववर्ती आनी अस्सलताय

शिफारस केल्ल्या उमेदवारांक तांची नियुक्ती पयलीं, नियुक्ती प्राधिकारिणी वरवीं तांच्या पूर्ववर्ती विशीं चवकशी करची पडटा आनी पात्रतायेच्या प्रमाणपत्रांच्या अस्सलतायेची पडताळणी करची पडटा.

## 19.कार्यारंभ वेळ

पदा खातीर शिफारस केल्ल्या आनी ड्युटीचेर सामील जावपाची गरज आशिल्ल्या उमेदवारान 'नियुक्ती प्राधिकारिणीच्या नियुक्ती आदेशा प्रमाणें' थारायिल्ल्या वेळा भितर ड्युटीचेर हाजीर रावपाक जाय. उमेदवाराचो कार्यारंभ  जावपाचो कालावधी नियुक्ती प्राधिकारिणीच्या स्वेच्छे प्रमाणें आसतलो.

## 20. अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी हेर मागास वर्गीय उमेदवारांची पात्रताय. (एससी आनी एसटी आनी ओबीसी)

अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमाती/हेर मागास वर्गीय आशिल्ल्याचो दावो करपी उमेदवारांनी, एससी/एसटी/हेर मागास वर्गीय वर्गांत तांच्या/तिच्या जातीचो/ समुदायचो आसपाव करपा संदर्भांत आनी निर्धारीत फॉर्मांत सक्षम प्राधिकारिणी कडल्यान जात प्रमाणपत्र घेवपाच्या उद्देशान गोंय सरकारान वेळावेळार जारी केल्ल्या अधिसुचोवण्यांक पाळो दिवपाक जाय. (चुकीची/बनावट जात/समुदाय प्रमाणपत्र सादर करप हो गंभीर गुन्यांव  आसा.)

## 21. दिव्यांग व्यक्ती आशिल्ल्या उमेदवारांची पात्रताय (पीडब्ल्यूडी)

दिव्यांग व्यक्ती (पीडब्ल्यूडी) आशिल्ल्याचो दावो करपी उमेदवारांनी, हे पदा खातीर परवानगी दिल्ल्या पीडब्ल्यूडीच्या प्रकाराचो आसपाव करपा संबंदी आनी निर्धारीत फॉर्मांत सक्षम प्राधिकारिणी कडल्यान योग्य प्रमाणपत्र घेवपाच्या उद्देशान गोंय सरकारान वेळावेळार जारी केल्ल्या अधिसुचोवण्यांक पाळो दिवपाक जाय.

## 22. माजी सैनीक आशिल्ल्या उमेदवारांची पात्रताय

माजी सैनीक आशिल्ल्या उमेदवारांनी तांच्या दाव्याक तेंको दिवपा खातीर निर्धारीत फॉर्मांत प्रादेशीक सैनीक मंडळ वा हेर खंयच्याय सक्षम प्राधिकारिणी कडल्यान प्रमाणपत्रां सादर करप आवश्यक आसा.

## 23. स्वातंत्र्य सैनिकाची भुरगीं आशिल्ल्या उमेदवारांची पात्रताय

स्वातंत्र्य-सैनिकाची भुरगीं आशिल्ल्या उमेदवारांनी आपल्या दाव्याक तेंको दिवपा खातीर निर्धारीत फॉर्मांत सक्षम प्राधिकारिणी कडल्यान प्रमाणपत्रां सादर करप आवश्यक आसा.

24. अनुसुचीत जाती वा अनुसुचीत जमाती, हेर मागास वर्गीय, पीडब्ल्यूडी, माजी सैनीक आनी स्वातंत्र्य सैनिकाच्या भुरग्यां खातीर राखीव दवरिल्ल्या पद/पदांची जायरात, सरकाराच्या धोरणा प्रमाणें आनी हे संदर्भांत वेळोवार जारी केल्ल्या सुचोवण्यां प्रमाणें एकदां वा एका परस चड वेळा दितले.

## म्हत्वाचीं टीप:

हांगा, वेगवेगळ्या गजालींचेर अर्ज न्हयकारपा संदर्भांतल्या तरतुदीचो हेतू म्हणल्यार, धाडिल्लो अर्ज पुराय आनी परिपूर्ण आसात हाची खात्री करपा खातीर आनी पुराय आनी परिपूर्ण अर्ज धाडिल्ल्या खंयच्याय उमेदवाराक जावपी गैरसोय आनी अन्याय टाळप असो जावन आसा.

**पात्रताय, अर्ज स्विकारप वा न्हयकारप, चुकीच्या माहिती खातीर दंड दिवप, निवड पद्दत, परिक्षा घेवप, परिक्षा केंद्रांचीं वांटणी आनी गुणवत्ता वळेरी आनी पद वांटणी, गैरवेव्हारांत गुंतिल्ल्या बद्दल प्रतिबंध घालप ह्या संबंदीत सगळया गजालींचो आयोगाचो निर्णय निमाणो आनी बंधनकारक आसतलो आनी हे संदर्भांत कसलीच चवकशी/पत्रवेव्हार स्विकारचे नात.**

अस्विकरण:- रिक्त पदाची कळोवणी नियुक्ती प्राधिकारिणी कडल्यान प्राप्त जाल्ल्या विनंतीचेर आदारीत आसता. नियुक्ती प्राधिकारिणीन दिल्ल्या पदांच्या नोकर भरती नेमांत निर्धारीत केल्ल्या प्रमाणें गरजेची पात्रताय दिल्या. खंयचीय मुद्रण चूक आसल्यार नोकर भरती फकत नोकर भरती नेमा प्रमाणें खरपणान जातली.

*****